प्रदेशिक खबरो 21.०८.२०२५ @ ७.25 am

रश्मी 110

गोंयच्या मंत्रिमंडळात फेरबदल जावपाच्या चर्चेक निमणो पुर्णविराम लागला. गोंयच्य राजकीय कायदो आनी न्यायवेवस्थ मंत्री आलेक्स सिक्वेरा हांणी मंत्रीमंडळांतल्यान राजिनामो दिला. कायदो, न्यायवेवस्था सयत तांचेकडेन पर्यावरण, बंदर कप्तान कायदो वेव्हार ही खाती आशिल्ली.वैयक्तीक कारणांक लागून आपणे हो निर्णय घेतला अशें तांणी म्हणलां.byte आलेक्ष

जाल्यार गोंय विधानसभेचे सभापती रमेश तवडकार हे आज सभापती पदाचो राजीमानो दितले अशी म्हायती तानी दिल्या आणि सभापती पद बरे तरेन सामाळ्ळे तेच प्रमाण आताय मंत्रीपदाची जापसालदारकी दिवपाचो पक्षाच्या सर्वश्रेश्ठ निर्णय जाला पक्षाफुडे हांव व्हड न्ही. अशी प्रतिक्रिया रमेश तवडकार हांणी पत्रकारांकडे उलयताना दिली byte रमेश

इतलेमजगती आदले मुख्यमंत्री दिगंबर कामत आनी सभापती रमेश तवडकार ह्या दोगांकुय आज राजभवनाचेंर दनपरा 12 वराचेंर मंत्रीपदाचो सोपुत दिवपाची औपचारीक सोपुतविधीची कार्यावळ जातली.

रश्मी 110

राज्यात बेकायदेसीरपणान चलपी बैल आनी रेड्यांची धिरयांचो प्रस्न सुटावो करपाच्या हेतान गोंय जनावरा साबांळ संचालनालयान एक अधिसुचोवणी काडल्या. ह्या अधिसुचोवणेप्रमाण बैल तशेंच रेड्यांच्या धनयांक आता विभागिय पशुवैजकीय अधिकाऱ्यांकडल्यान मायक्रोचीप बसोन संबंधित जनावरांची नोंदणी करुन घेवप सक्तीचे केला. हे खातीर सराकरान अधिसुचोवणी काडल्या उपरांतच्य तारखे उपरांत एका म्हयन्याची मुजत दिल्या. अशा जनावरांच्या धनयान जर संबंधित नोंदणी केली ना जाल्यार तो धनी ही जनावरा धिरयांक व्हरपाक सोदता अशे गृहीत धरुन अशा धनयांचेंर ह्या फुडे कडक कारवाय जातली.

जाल्यार  नोंदणी नाशिल्ले बैल आनी रेडे जप्त करुन तांका गोशाळेत स्थलांतरीत करतले . नेम मोडप्यांक  50 हजार रुपाय मेरेन दंड जाव येता,  तशेच  जप्त केल्या जनावरांक गोशाळेत  दवरल्यार ताचो खर्च लेगीत  जनावराच्या धनयाक फारीक करचो पडटलो अशे ह्या आदेशात म्हणला

रश्मी 100

बलराम चेरीटेबल ट्रस्टावतीन फाटल्या दोन वर्सासांवन श्रमधाम ह्या उपक्रमावरवी ४० घरा गरजुंक बांदुन दिल्यात. आता  चवथीपयली स्वतचो हक्काचो निवारो दिवपाक तिसऱ्या पावडयार काणकोण, सांगे, सावर्डे, आनी प्रियोळ मतदारसंघातल्या ३० गरजु गोंयकारांक ट्रस्टावतीन हक्काचे घर दिवपाक बलराम चेरीटेबल ट्रस्ट येसस्वी जाला अशी म्हायती ट्रस्टाचे अध्यक्ष आनी गोंय विधानसभेचे सभापती रमेश तवडकार हांणी पणजेत  पत्रकार परीशदेत  दिल्या.
२३ ऑगस्टाक पणजे कला अकादमीत बलराम चेरीटेबल ट्रस्टावतीन श्रमधान ह्या उपक्रमाचेर म्हायती दिवपी खासा अधिवेशन ट्रस्टान आयोजित केला. ह्या कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हण केंद्रिय आदिवासी कल्याण मंत्री जुआल ओराम तशेंच  गोंय राज्याचे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाजीर आसतले. हे वेळार घरांच्यो चावयो लाभार्थ्यांक दीतले अशी म्हायती रमेश तवडकार हांणी दिल्या.

स्पोर्ट्स 30

दिल्लीत सुरु अशील्ल्या 10 व्या मिनी 14 वर्सा सकयल्या राष्ट्रीय टेनिस बोल क्रिकेट सर्तीत गोयच्या दोनुय पगडान बरी कामगिरी करत चलयाचो पगड उपांत्य फेरयेत पावला तर चले पगडान उपांत्य पूर्व फेरी गाठल्या

IMD 55

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 25.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २३.6  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फाटल्या २४ वरात पावसाची नोंद ४९.3 **MM** इतली जाल्या फुडले काय वाठरांनी व्हडा  प्रमाणात

पावस पडू येता वारे वराक 30 ते40 किलो मिटर वेगान व्हावतले अशे वेधशाळेन कळीत केला